घटक राज्य दिस - 190

गोंय आयज आपलो ३९वो घटक राज्य दिस मनयता. गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयकारांक परबीं दिल्यांत. आमच्या सोबीत गोंय राज्याच्या इतिहासीक 39व्या घटक राज्य दिसाच्या निमतान हांव गोंयकारांक परबी दिता अशें आपल्या संदेशांत मुख्यमंत्र्यांनी म्हळा. 30 मे 1987 दिसा गोंयाक घटक राज्यचो दर्जो मेळळे उपरांत लोकांचें बऱ्याच काळासावन आशिल्लें सपन खऱ्या अर्थान लोकशाय पद्दतीन वेवस्थीत पुराय जालें. घटक राज्यक लागून गोंयाक एक वेगळें व्यक्तिमत्व मेळळें. गोंयच्या फुडारी, स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांनी आनी गोंयच्या लोकांनी राज्याचो दर्जो गोंयाक मेळचो हे खातीर खूब यत्न केले. ह्या दिसा गोंयच्या स्वातंत्र्याच्या संघर्शांत लोकांनी केल्या त्यागाचो आमी उगडास करतात आनी मान दितात अशे तांणी म्हळे. गोंय राज्यान उदरगतीच्या वेगवेगळया मळार तोखणायेची प्रगती केल्या. गोंय स्वयंपूर्ण करपा खातीर सरकारान जायते उपक्रम सुरू केल्यात अशें तांणी आपल्या संदेशांत म्हळे.

39व्या गोंय घटक राज्य दिसाचो राज्य पावंड्यावेली कार्यावळ 30 मे क सकाळीं 11 वरांचेर पणजेच्या कला अकादमीच्या दीनानाथ मंगेशकर कला मंदिरांत जातलो. ह्या कार्यावळीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, प्रोटोकॉल राज्यमंत्री माविन गुडिन्हो, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फल्देसाय, भारत सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयाची संयुक्त सचीव एस. अर्चना अवस्थी, आनी हेर मानेस्त आसतले. ह्या निमतान राज्याचे अर्थीक उदरगती खातीर आनी गोंयची अस्मिताय तिगोवन दवरपा खातीर वावर केलया गोंयच्या नामनेच्या व्यक्तींचो भोवमान जातलो.

रश्मि 160

केंद्र सरकाराच्या capital investment scheme वरवी गोंयात पर्यटनाचे सुमार 400 कोटी रुपयाच्या वेगवेगलया प्रकल्पांक सध्या मंजुरी मेळळया अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. पर्वरी टावन स्केवर आनी फार्मागुडयेर छत्रपती शिवाजी म्हाराज डीजीटल म्युझियम हे दोनय प्रकल्प हया येवजणे वरवीच जातले अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी पणजे पत्रकार परीशदेत दिली. मंत्रिमंडळाच्या बसकेत मंजूरी मेळील्ल्या प्रकल्पापेकी पर्वरीत 120 कोटी रुपया पर्वरी टावन स्केवर प्रकल्प, तशेचं पर्वरी क्रिकाचे कामाखातीर 22 कोटी रुपया आनी फार्मागुडी 64 कोटी रुपयाचो छत्रपती शिवाजी म्हाराजांचो डीजीटल म्युझियम बांधपाच्या प्रकल्पांचो आस्पाव आसा.

सुभाष 90

आंतरराष्ट्रीय योग दीसाची तयारी म्हूण राज्यातल्या सगळया शाळांनी ४ जून सावन योग सत्रां सुरू करचीं अशें राज्य शिक्षण संचालनालयाचे शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी परीपत्रकां वरवी सगळयां शाळांक कळीत केलां. शाळांनी दर दिसा सकाळीं नेमान शिक्षणीक तास सुरू करचे पयलीं उण्यांत उणें अर्द वर योग सराव करचो अशें तांणी मागलां. ही सराव सत्रां उणींच २१ जून २०२५ मेरेन चालू उरुंक जाय आनीक गरज पडल्यार शाळा वेवस्थापन तातूंत वाड करूंक शकता अशें झिंगडे हांणी म्हळां. योग कार्यावळीचे सगळे फोटो आनी संक्षिप्त नियाळ २५ जून मेरेन राज्य शिक्षण संचालनालयाक धाडून दिवंचे अशेंय ह्या परिपत्रकांत स्पष्ट केला.

हवामान 20

गोंयांत खुपशा सुवतांनी दडकांनी पावस पडतलो असो अदमस गोंय वेधशाळेन उक्तायला. वराक ४० किमी नेटान व्हावपी वाऱ्यांचो वेग 50 किमी इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

आयपीएल – १२०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती चंदीगडातल्या मुल्लानपूरात जाल्ल्या पयल्या क्वालिफायरात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान पंजाब किंग्ज पंगडाक ८ गड्यांनी हारोवन निमण्या फेरीयेत पावल घाले. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. पंजाब किंग्ज पंगडाचो डाव १४.१ षटकात १०१ धावंड्यात सोपलो. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरूच्या जोश हेझलवूड आनी सुयश शर्मान दरेकी तीन गडे बाद केले. आरसीबीन पंजाब पंगडान दिल्ले मोख फकत १० शटकातूच पूराय केले. फिलिप सॉल्ट हांणे ५६ धावंड्यो केल्यो.

पहिल्या क्वालिफायरउपरांत, सगळ्यांची नदर आता एलिमिनेटरचेर आसा. एलिमिनेटरच्या खेळात मुंबई इंडियन्स आयज गुजरात टायटन्स पंगडा आड खेळतलो. ह्या दोनूंय पंगडामदलो जैतीवंत पंगड १ जूनाक दुसऱ्या क्वालिफायर खेळात पंजाब किंग्ज पंगडा आड खेळतलो. दुसऱ्या क्वालिफायरमदलो जैतीवंत पंगड ३ जूनाक अहमदाबादेतल्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात जावपी निमण्या खेळात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडाआड खेळतलो.